# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक स्वातंत्र्य दिसानिमतान परबीं

ता. 14 ऑगस्ट 2023

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक भारतीय स्वातंत्र्य दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा,"भारतीय स्वातंत्रतायेच्या ह्या उमेदीच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयता. 15 ऑगस्ट हो भारतीयांखातीर अभिमानाचो दीस जावन आसा. हो उमेदीचो प्रसंग आमकां सगळ्यां देशभक्तांक नमन करपाची आनी जांणी आपल्या रगताचो त्याग करून आमच्या देशाक परकीय राजवटीच्या बंधनातल्यान मुक्त केले त्या हुतात्म्यांक आर्गां ओपपाची संद दिता. ह्या म्हत्वाच्या प्रसंगार हांव सगळें कीर्तवंत आनी ज्ञात-अज्ञात शुर-विरांक काळजासावन आर्गां ओपता, जांणी स्वातंत्र्य मेळोवपा खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केलो.

स्वातंत्र्य दीस हो न्हय फकत दिनदर्शिके वयली तारीख, जाल्यार हो दीस मनीस भावनेचे यस, भयाचेर धैर्याचें आनी भेदभावाचेर एकवटीत शक्तीचे जैत मनोवपाचो प्रसंग आसा. हो दीस आमच्या इतिहासाकडेन वळून पळोवपाचो, आमच्या विविधतायेचो सन्मान करपाचो आनी आमच्या घटनेतल्या न्याय, समानताय आनी बंधुत्वाच्या आदर्शांप्रती नव्यान कटीबद्द जावपाचो दीस आसा.

हो म्हत्वाचो दीस मनयताना आमी याद दवरपाक जाय, की आमच्या स्वातंत्र्यान आमचेर लोकशाय, धर्मनिरपेक्षता आनी सामाजीक सलोख्याच्या तत्वांचो सांबाळ करपाची आनी ती उबारून धरपाची जापसालदारकी दिल्ली आसा. ह्या म्हान देशाचे नागरीक म्हूण आमी भारत एक भरभराटीचो आनी समृध्द देश करून स्वातंत्र्य सैनिकांचे सपन पुर्ण करपाची खात्री दिवपाक जाय. आयज आमी आमचो राष्ट्रीय तिरंगो बावटो अभिमानान हुबयताना आमच्या काळजांत देशभक्तीची ज्योत पेटोवया आनी आमच्या प्रिय देशाच्या उदरगतीखातीर आमचें योगदान दिवपाची प्रतिज्ञा करूया. भारताचे भाग्य घडोवपात आमी प्रत्येकान भुमिका निभावपाक जाय आनी आमी एकवटान राष्ट्राची उबारणी करपाक जाय, जे राष्ट्र संवसारामुखार ताट मानेन मिरयतले.

स्वातंत्र्याची 75 वर्सां पुर्ण जाल्ल्या निमतान आमी "आजादी का अमृत महोत्सव" मनयतात आनी मानादीक प्रधानमंत्र्यान 2047 मेरेन अमृत काळाची घोशणा केल्या आनी ह्या काळात भारत एक ग्लोबल लिडर म्हूण फुडें येतलो. हांव तुमकां आता सपना पळोवपाचो आनी अमृत काळाच्या उरिल्ल्या काळांत तुमची सपनां पुर्ण करपा खातीर काम करपाचो उलो मारता.

गोंय हे भारताच्या मुकूटातले रत्न जावन आसा. गोंयाक विलक्षण इतिहास, संस्कृती आनी विविधतायेचो वारसो लाभिल्लो आसा, जो आमच्या म्हान देशाक समृध्द करता. स्वातंत्र्या मेरेनचो आमचो प्रवास सोपो नाशिल्लो, आमच्या मुखार अनेक आव्हांनां आशिल्ली, पुण आमच्या लोकांचे धैर्य आनी निर्धाराक लागून स्वातंत्र्य आनी सार्वभौमत्वाच्या प्रयत्नांक जैत मेळ्ळे.

म्हाका खुशालकाय जाता, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या युवा आनी कुशळ फुडारपणाखाला गोंय राज्यांन दोळें दिपकावपी उदरगत केल्या. मोपा हांगाचो जागतिक दर्जाचो मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळ पुर्ण केला, जो सोलर पॉवर प्लांट, पावसाचे उदक साठोवपाची वेवस्था, सिव्हेज प्रक्रिया प्रकल्प, 3-डी मोनोलिथीक प्रिकास्ट बिल्डिंग, दर्जेदार रस्ते, रोबोमॅटीक हॉलो प्रिकास्ट व्हॉल्स अशां शाश्वत आनी आधुनिक साधनसुविधांसयत उबारला. दुसरो म्हत्वाचो प्रकल्प 8 पदरी नवो जुवारी पूल. ह्या पुलाक दोनीय वटेनच्यान 4 लेनी आसात. ह्या पुलाक लागून वाहनांक काणकोण ते पणजी मेरेनचे अंतर पुर्ण करपाक कमी वेळ लागता. ह्या शिवाय अनेक म्हत्वाचे प्रकल्प सरकारान पुर्ण केल्ले आसा.

गोंय राज्य केंद्र सरकाराच्या अनेक येवजणांची यशस्वी अंमलबजावणी करून फुडें वाटचाल करता. राज्य सरकार गोंयच्या लोकांच्या कल्याणाखातीर नेटान काम करता. युवकांक आवश्यक कुशळटाय दिवपा खातीर सरकारान अप्रेंटिसशीप प्रशिक्षण येवजण सुरू केल्या. अशा येवजणेची अंमलबजावणी केल्ले खातीर प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांची तोखणाय केल्या. आयज गोंय राज्य उदरगतीच्या सगळ्यां मळार फुडें आसा आनी बेगीनच आमचें सोबीत गोंय हे देशातल्या कांय राज्यांमदी "स्मार्ट राज्य" जाल्ल्याचे आमकां पळोवक मेळटले.

गोंय हे शांतीकायेची भुंय, गोंयांत अनेक आकर्शणां आसात. गोंयांन राष्ट्रीय उद्दीश्टांसयत मजबूत लोकशाय परंपरेचो वारसो सांबाळून दवरला. जगातल्या विविध वाठारांतले लोक गोंयची सैमिक सोबीतकाय आनी सांस्कृतिक वारसो पळोवपाक आनी आनंद घेवपाक हांगा येतात. तुमकां सगळ्यांक खबर आसाच, की गोंय राज्याचे सामाजीक –आर्थिक दर्शक देशातल्या हेर राज्यांपरस खुप बरें आसा. मजबूत अर्थ वेवस्थेसयत देशांत गोंयचे per capita income सगळ्यांत चड आसा. गोंय राज्याचो म्हाका अभिमान दिसता, अन्न सुरक्षेच्या बाबतीत गोंय राज्याक सतत पाचवे खेपे ल्हान राज्यांमदी उत्कृश्ट काम करपी राज्य म्हूण पुरस्कार फावो जाला.

ह्या प्रसंगार हांव आमचे स्वातंत्र्य अखंड दवरपा खातीर आमच्या शीमांचे निस्वार्थपणान रक्षण करपी धाडशी सैनिकांप्रती कृतज्ञताय व्यक्त करता. तशेंच खास करून आव्हांनांच्या काळांत समर्पितपणान काम केल्ल्या आमच्या फ्रंटलायन वर्कर आनी अत्यावश्यक सेवा दिवप्यांचेय आमी उपकार मानूया. आमी भविश्याकडेन वाटचाल करतना इनोव्हेशनाक आपणावया, शाश्वत विकासाच्या तत्वांक उबारून धरूया आनी भारताक न्हय फकत आर्थिक बाबतीत, जाल्यार सामाजीक आनी पर्यावरणदिश्ट्या मजबूत करपाचे काम करूया.

शेवटाक हांव म्हज्या सगळ्यां मोगाळ गोंयकारांक आनी भारतीयांक जात, पात आनी धर्म भेदभाव पयस करून एकटाय येवपाचो आनी आमच्या राष्ट्राची भरभराट आनी कल्याणा खातीर काम करपाचो उलो मारता. गरीबांचे सशक्तिकरण करून, शिक्षणाक प्रोत्साहन दिवन आनी दया आनी आपलेपणाच्या संस्कृतीक पोसवण दिवन आमी बदलाचे शिल्पकार जावया. प्रगतीची नवी तेंगशी गाठपाक आनी मजबूत, समृध्द आनी समतोल भारताच्या दिश्टाव्या लागी पावपाक स्वातंत्र्याच्या भावनेतल्यान आमकां प्रेरणा मेळू, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/634

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.